**प्रधानमंत्री विश्वकर्मा प्रदर्शन आनी वेपार मेळाव्याचे आयोजन**

ता. 9 मार्च 2026

भारत सरकाराच्या सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देंग मंत्रालयाच्या एमएसएमई विकास आनी सुविधा कार्यालयान (मडगांव) 11 ते 15 मार्च 2026 मेरेन बीपीएस स्पोर्टस क्लब, मडगांव हांगा प्रधानमंत्री विश्वकर्मा प्रदर्शन आनी वेपार मेळाव्याचे आयोजन केला.

मेस्तकाम, लोहार, कुंभार, गवंडी, शिवणकाम, चामार आनी हेर पारंपरिक वेवसाय करपी पारंपरिक कारांगिरांक आदार आनी प्रोत्साहन दिवप हो प्रदर्शनाचो उद्देश आसा. हे येवजणे खाला विश्वकर्मा कारांगिरांक अर्थिक सहाय्य दिवप, तांची कुशळटाय वाडोवप, तांकां आधुनिक हत्यारां दिवप आनी वेपार करपाक सुविधां निर्माण करपाचेर भर दितात.

ह्या प्रदर्शनातल्यान पीएम विश्वकर्मा लावधारक आनी थळाव्यां कारांगिरांक आपली उत्पादनां प्रदर्शीत करपाक आनी विक्री करपाक मेळटले. प्रदर्शन लोकांखातीर सकाळी 11.00 ते रातची 8.00 मेरेन उकते आसतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/149

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.